आकाशवाणी पणजी - प्रादेशिक खबरो

०८.०४.२०२५ सकाळी ७.२५

गोंय शालांत मंडळान मार्चात घेतील्या धावी परीक्षेचो निकाल 95.35 टक्के लागला. फाटले वर्सापरस अंदु निकाल चड लागला. शालांत मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हाणी पत्रकार परिषदेत निकाल जाहीर केलो. मंडळाच्या वेबसायटीचेर सविस्तर निकाल उपलब्ध आसा. चले भुरग्यांचो निकाल 94.98 टक्के जाल्यार चलयांचो निकाल 95.71 टक्के लागला.

भोमा सावन पोरणें गोंय मेरेनच्या 7 किलो मिटर लांबयेच्या रस्त्या खातीर केंद्रान 1060.21 कोटी रुपयां मंजूर केल्यात. केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी ही म्हायती दिली. ह्या रस्त्या खातीर केंद्रान 1060.21 कोटी रुपयां मंजूर केल्ल्यान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केंद्राचे उपकार मानल्यात. हो रस्तो अरुंद आशिल्ल्यान भोमा, कुंडय, खोर्ली हांगा सेगीत येरादारीची कोंयडी जाता. ह्या 7 किलोमिटराच्या पट्ट्याचेर वट्ट 4.275 मीटराचे इलीवेटेड कॉरीडॉर बांदतले. हो पट्टो पुराय जातकच पणजे सावन खंडेपार मेरेनचो फोर लेन रस्तो पुराय जातलो.पणजी-बेळगांव रस्तो फोर लेन जाले उपरांत तेलंगण, आंध्र प्रदेश आनी कर्नाटक सावन गोंयांत येवपी प्रवासी आनी म्हाल येरादारी चड सुरळीत जातली.

अस्नोडा बायपास प्रकल्पाच्या बांदकामाचो नियाळ आयज मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी प्रत्यक्ष पळोवणी करून घेतलो. 130 कोटी रूपया खर्च करून सरकार हो प्रकल्प तयार करता अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या.थळाव्या शेतकारांक आनी गांवांतल्या लोकां कडेन संपर्क सादात, पावसाच्या उदकाची वाटेवीशी तांचो हुस्को सोडोवपाक, रस्त्याची पातळी वाडिल्ल्यान घरांनी आनी शेतांनी उदक वचचें न्हय हे खातीर उपाय चालीक लावपाक, तशेंच शिरगांवच्या देवी श्री लईराई देवळाक भेट दिवपी भक्तांक फावो ती पार्किंग सुवात मेळची हाची खात्री करपाक मुखूलमंत्र्यान भौशीक बांधकाम खात्याक ह्यावेळार आदेश दिले.

यत्ता ६, ७, ८, ९, १० आनी १२ च्या वर्गा खातीर नव्या शिक्षणीक वर्साची आयज अधिकृतपणान सुरवात जाली. ७ ते ३० एप्रील मेरेन सकाळीं ८ ते ११:३० ह्या वेळार वर्ग चलतले. उपरांत मे म्हयन्यांत सुटी आसतली. ३ जूनाक शाळा परत सुरू जातली. आयज राज्यभरच्या शाळांनी सकाळची प्रार्थना करून शिक्षणीक वर्साची सुरवात जाली.

मजगतीं, नवें शिक्षणीक वर्स सुरू करपाचो निर्णय हो पालकां कडेन कसलीच चर्चा करिनासतना घेतिल्ल्याचो दावो करून कांय पालकांनी पणजेच्या शिक्षण संचालनालया कडेन सरकारच्या धोरणां आड आंदोलन केलें. आयज पसून सुरू जाल्ल्या शिक्षणीक वर्साच्या पयल्याच दिसा शिक्षक आनी पालकां कडल्यान सकारात्मक प्रतिसाद मेळ्ळा अशें हे विशीं उलयताना शिक्षण संचालक, शैलैश झिंगडे हांणी म्हणलें. राज्यांतल्या चडशा शाळांनी विद्यार्थ्यांची १०० टक्के हजेरी नोंद जाल्या.

भारत सरकाराच्या पृथ्वी विज्ञान मंत्रालयाच्या (MOES) खाला आशिल्ल्या नॅशनल सेंटर फॉर पोलर अँड ओशन रिसर्च (NCPOR) च्या रुप्या महोत्सवाच्या उत्सवाचें उक्तावण MOES चे आदले सचीव, NCPOR चे संस्थापक संचालक पद्मश्री डॉ. पी.सी. पांडे आनी पद्मश्री डॉ शैलेश नायक आनी NCPOR संचालक डॉ. थंबन मेलोथ हांच्या हाजिरेंत जाले. ही संस्था ५ एप्रिल २००० दिसा प्रामुरली एम. जोशी हांणी उक्तावण केल्ली. NCPOR संचालक डॉ. थंबन मेलोथ हांणी सगळ्यांक येवकार दिलो. अंटार्क्टिक स्टडी सेंटर आनी नॅशनल सेंटर फॉर अंटार्क्टिक अँड ओशन रिसर्च NCAOR चे आदले संस्थापक संचालक डॉ. पी.सी. पांडेय हांणी हेडलंड सडा हांगा कोयर उडोवपाच्या सुवातेर सुरवाती सावन ही संस्था स्थापन करपाचे आनी कायदेशीर आव्हानांक तोंड दिवन NCAOR चें सपन साकार करपाचे आपले अणभव सांगले.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान34.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 21 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 83 % नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस 35-26 डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आसतले आनी काय दुर्गम वाठरांनी दमट उष्ण तापमान आसू येता असो अदमास वेधशाळेन उक्तायला. काला राती खुपश्या सुवातानी पावसा पडलो आनी झाडा पडपाच्यो घडणुको घडल्यो.

आयपीएल टी-20 क्रिकेट खेळांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून मुंबय इंडियन्साक 12 धांवड्यांनी हारयले. 222 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो हाटलाव करतना मुंबय इंडियन्स 20 ओव्हरींनी फक्त 209 धांवड्यो करपाक येसस्वी जाले.